आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा

Date :25/06/2025 7.20 pm

मुखेल खबरो

आणिबाणीच्या रुपान संविधानाची हत्या जाल्ली हो इतिहास नवे पिळगेक कळचे खातीर ताचो फुडारात अभ्यासक्रमांत आस्पाव करपाचो विचार आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी म्हळा.

तारवट्यांची पेन्शन येवजण कायमस्वरुपी करतले अशे मुखेलमंत्रायनी सांगले .

पारदर्शकता, बेगोबेग सेवा, आनी डीजीटल माध्यमाचो उपेग करुन नागरीकांक तंत्रगिन्यानाच्या आधारान सेवा दिल्याखातीर आयटी मंत्री रोहन खंवटे हांणी गोंय म्हायती आनी तंत्रगिन्यान खात्यात काम करपी कर्मचाऱ्याची तुस्त केल्या.

भारतीय अंतरिक्ष यात्री शुबंशु शुक्लाक आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्राचेर व्हरपी ॲक्सियम-4 मोहिमेचे आयज मेरिकेंतल्या फ्लोरिडाच्या केनेडी स्पेस सेंटरांतल्यान येशस्वि प्रक्षेपण जाले.

आता पुराय खबरो

सुशांत १३०/१६०

५० वर्सां आदीं देशाचेर आणिबाणी लादून संविधानाची हत्या जाल्ली हो इतिहास आतांच्या भुरग्यांक कळपाची गरज आसा अशें मत मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी आयज उक्तायले. हो इतिहास नवे पिळगेक कळचो हे खातीर ताचो म्हाविद्यालयीन अभ्यासक्रमांत आस्पाव करपाचो विचार आसा अशें तांणी सांगलें.मडगावच्या कारे कायदो महाविद्यालयांत आयज संविधान हत्या दिसाची कार्यावळ जाली.

ह्या वेळार डॉ. सावंत हांणी सांगलें, आणीबाणी वेळार नागरिकांचे मुळावे हक्क काडून घेतले. लोकांक सत्ताधाऱ्यां आड उलोवपाची मेकळीक नाशिल्ली. तांचे सयत विरोधी फुडाऱ्यांकूय अटक करताले. प्रसारमाध्यमांचेर बंदी हाडिल्ली. ही आणीबाणी २१ म्हयन्यां मेरेन लागू आशिल्ली आनी ह्या काळांत कायद्या प्रमाण कांयच जायनाशिल्लें. गोंयांकय हाजो फटको बसलो अशें तांणी सांगलें. आपल्या बापायचोय आणिबाणी विरोधातल्या लढ्यात आस्पाव आसलो अशें तांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचो संविधानाचेर पुराय विस्वास आसून संविधानाक घातक अशी कसलीच  घडणूक भाजप फुडाऱ्यांकडल्यान आनी सरकारांकडल्यान जावप शक्य ना अशेंय मुखेलमंत्र्यांनी म्हळें.

सुशांत १७०/२००

गोंयच्या तारवट्यांक पेन्शनाचो लाव भाजप सरकाराच्या कार्यकाळांत मेळ्ळो. ही येवजण मनोहर पर्रीकर मुख्यमंत्री आसतना तयार केल्ली. ही येवजण आतां कायमस्वरुपी करतले, अशी म्हायती मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. आयज मडगांवच्या रवींद्र भवनात घडोवन हाडिल्ल्या 'तारवटी दीस' कार्यावळीत तांणी ही घोशणा केली. गोवन सीमन असोसिएशन ऑफ इंडिया हे संस्थेवतीन ही कार्यावळ घडोवन हाडिल्ली.

ह्या वेळार आदले तारवटी आशिल्ले आदले मुख्यमंत्री चर्चिल आलेमाव आनी हेर म्हालगड्या तारवट्यांचो मुख्यमंत्र चे  हस्तुकी भोवमान केलो. ह्यावेळार उलयताना डॉ. सावंत हांणी सांगलें, तारवटी हो गोंयचो म्हत्वाचो घटक जावन आसा. तारवटी दीस इतले व्हड प्रमाणांत मनोवपी गोंय हें एकूच राज्य जावन आसा. गोंयच्या तारवट्यांक सुमार देडशे वर्सांचो इतिहास आसा. निळी अर्थवेवस्था घटमूट जावची ह्या खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी फुडाकार घेवन वेगवेगळ्यो येवजण्यो चालीक लायल्यात अशें सांगून गोंयच्या तारवट्यांचे प्रस्न सरकार सुटावे करतले अशें तांणी सांगलें. तारवटी जावप्याक कुशळटाय येवची हे खातीर राज्यात दोन संस्थांनी कोर्स उपलब्ध आसात. ताचो  फायदो गोंयच्या तरणाट्यांनी घेवचो. हे मेरीटायम संबंदीत कोर्स हे नोकरी उपलब्ध करुन घेवपाक फायद्याचे आसात. तांची म्हायती तारवट्यांच्या संस्थेन तरणाट्यांमेरेन पावोवची अशी मागणी तांणी केली.

रश्मि   170

का ॅग्रेसान लागु केल्ल आणीबिणीलागून  संविधिनिची हत्या जाल्या. लोकशायेची तत्वां झुगारून का ॅग्रेस पक्षान स्वतच्या सुवार्थाखातीर सत्तेचे राजकारण केले. तशेच आणीबाणीच्या काळात जुलमी राजवट लादुन ह्या सरकाराआड आवाज उठोवपी सुमार 1 लाख 10 हजार लोकांक कादयेत घाले असो आरोप ह्यावेळार भारतीय जनता पार्टीचे राश्टीय सरचीटणीस आनी खासदार अरूण  सिंग हांणी पणजेत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत केला. हेवेळार ताणी सांगले (bytes ३० sec ) ह्या पत्रकार परीशदेक राज्यसभेचे खासदार सदिनंद शेट तानावडे हाजीर आशील्ले.

मजगती गोंय भाजपा वतीन आयज पणजे इन्सटीट्युट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरात संविधान हत्या दीस  पाळलो . आणीबाणीच्या काळांची झळ गोयाक लेगीत लागली गोयच्या प्रेसाची वीज जोडणी तोडली अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. तेन्नाची प्रधानमंत्री इंदीरा गांधीन लोकांचे मुळावे हक्क काडुन घेतले अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यानी म्हळा. आणीबाणीचो देशाचेर जाल्लो परीणाम आयच्या तरणाट्यांक कळचो म्हण भाजप पक्षावतीन आयज संविधान हत्या दीस पाळतात अशे ह्यावेळार गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी म्हणला. ह्या वेळार  आणीबिणीच्या काळात कादयेत गेल्ले राजेंद्र बखले आनी आनंद ओटावणेकार हांचो मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी भौमान केलो. तशेंच emergency diary ह्या पुस्तकाचे विमोचन   जाले.

५०

भारतीय अंतरिक्ष यात्री शुबंशु शुक्लाक आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्राचेर व्हरपी ॲक्सियम-4 मोहिमेचे आयज मेरिकेंतल्या फ्लोरिडाच्या केनेडी स्पेस सेंटरांतल्यान येशस्वि प्रक्षेपण जाले. कॅप्टन शुक्ल हो अंतरिक्षांत वचपी दुसरो भारतीय अंतरिक्षयात्री. ताचेपयलीं विंग कमांडर राकेश शर्मा हाणें 1984 वर्सा सोव्हिएत मोहिमेचो भाग म्हणून अंतरिक्षांत भोंवडी केल्ली.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी  सुभांशु शुक्लचे ॲक्सियोम-4 मोहिमेन  भारतीय अंतरिक्ष मळार मैलाचो फातर घाला आनी हे मोहिमेचो  पुराय राष्ट्र अभिमान बाळगता अशें सांगलां.

केंद्रीय अंतरिक्ष राज्य मंत्री डॉ जितेंद्र सिंग हाणी शुभंशु शुक्लाक परबीं दिताना सांगले (bytes २३ sec .)

रश्मि 170

सरकारान चालीक लायिल्लया गोवा ऑनलायन ह्या डीजीटल सेवेन जून 2025 मेरेन 30 परस चड खात्यांतल्या 9.34 लाखां वयर वेगवेगळ्या अर्जांचेर प्रक्रिया केल्याआनी  सुमार 200 परस चड सेवा डिजिटल केल्ल्या कारणन  आतां नागरिकांक प्रमाणपत्रां, आनी परवान्यां खातीर ऑनलायन अर्ज करपाक मेळटात, जाका लागून प्रत्यक्ष  कार्यालयानी वचून  कागदपत्र सादर करपाचो वेळ वाचला.

पारदर्शकता, बेगोबेग सेवा, आनी डीजीटल माध्यमाचो उपेग करुन नागरीकांक तंत्रगिन्यानाच्या आधारान सेवा दिल्याखातीर आयटी मंत्री रोहन खंवटे हांमी ह्या खात्यात काम करपी

कर्मचाऱ्याची तुस्त केल्या. 9.54 लाख अर्जपैकी , 9.34 लाख अर्जांचेर प्रक्रिया करुन लोकांक बरी सेवा दिवपाक गोवा ऑनलायन पोर्टल येसस्वी थारला अशे मंत्री रोहन खंवटे हांणी ह्यावेलार म्हणला.

जावडेकर 100

शिक्षण खात्यान सरकारी मुळाव्या शाळांतली यत्ता पयली आनी तिसरेच्या विद्यार्थ्यांक शाळेचो गणभेस आनी रेनकोट विकत घेवपा खातीर 1100 रुपया इतलो निधी सरळ लावार्थ्यांच्या बँक खात्यांत जमा करपाची प्रक्रिया सुरू केल्या. रेनकोट विकत घेवपाक 500 रुपया आनी गणभेस विकत घेवपाक 600 रुपया बँक खात्यांनी घालतले. 'रेनकोट आनी गणभेस पुरवण' हे येवजणे खाला हो निधी दितले, हे पयशे सरळ लावार्थ्यांच्या खात्यांत पावचे खातीर ही प्रक्रिया पयलेच फावट शिक्षण खात्यान सुरू केल्या, अशी म्हायती शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी दिली.हे येवजणेचो 9200 विद्यार्थ्यांक हाचो लाव मेळटलो. भाग शिक्षण अधिकारी आनी शाळांचे मुख्याध्यापक हांकां 15 जुलय मेरेन निधी वाटपाची प्रक्रिया पुराय करपाचे निर्देश सरकारान

७०

आंतरराष्ट्रीय ड्रग्ज विरोध दिवसाचेर आयोजित कार्यक्रमात, पोलीस अधीक्षक सूनिता सावंत हांनी विद्यार्थ्यांक घुवळे वखदाच्या व्यसनाचेर जागरूक रावून योग्य मार्गदर्शन घेवपाचो सल्लो दिलो. पणजी आनी लागसारच्या शाळांतल्या कनिश्ट रॅड क्रॉस आनी युथ रेड क्रॉस वांगडी विद्यार्थ्यांक संबोधीत करतना सावंत हांणी सांगलें, विद्यार्थ्यांनी शाळेच्या आवारांतल्या बेकायदेशीर वावराची जाणविकाय करून हे धोके पयस करपा खातीर पालकांक वा जापसालदार व्यक्तींक कळोवचें. ही कार्यावळ इंडियन रेड क्रॉस सोसायटीच्या गोंय फटयान पणजी नगरपालिका इमारतींच्या कार्यालयांत घडवोन हाडील्ली.

प्रसार भारती वेस्ट झोनांत आकाशवाणी आनी दूरदर्शन केंद्रां खातीर टेक्निकल इंटर्न्स पदांखातीर अर्ज मागयता. ६६ जाग्यांखातीर भरती जातली १ वर्साचो कंत्रात आसतलो आणि मानधन ₹२५,००० असतले

इलेक्ट्रॉनिक्स, IT, सिव्हिल, टेलिकम्युनिकेशन आदी शाखेंतल्यान ६५% गुणांनी BE/ME

केल्ले फ्रेश ग्रॅज्युएट्स https://avedan.prasarbharati.org ह्या संकेत थळार अर्ज करूंक शकतात

भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या पांच दिसात मध्य महाराष्ट्र कोंकण आनी गोंयात हकलो ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय उक्तायला . तशेच वारे वराक 30 ते 40 किलो मिटर वेगान व्हावतले देखून नुसते मारानी खोल दर्‍यांत वचचे न्ही अशे खात्यान कळीत केला

हॉकी इंडिया मास्टर्स कप सरतीची पयली आनी दुसरी सेमी फायनल मॅची आयज चेन्नईत जातली. पयले मॅचींत तमिळनाडू आनी चंडीगढ आनी दुसरे सेमी फायनल मॅचींत ओडिशा महाराष्ट्रा आड खेळटले.

आता परतून एक फावट मुखेल खबरो

आणिबाणीच्या रुपान संविधानाची हत्या जाल्ली हो इतिहास नवे पिळगेक कळचे खातीर ताचो फुडारात अभ्यासक्रमांत आस्पाव करपाचो विचार आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी म्हळा.

तारवट्यांची पेन्शन येवजण कायमस्वरुपी करतले अशे मुखेलमंत्रायनी सांगले .

पारदर्शकता, बेगोबेग सेवा, आनी डीजीटल माध्यमाचो उपेग करुन नागरीकांक तंत्रगिन्यानाच्या आधारान सेवा दिल्याखातीर आयटी मंत्री रोहन खंवटे हांणी गोंय म्हायती आनी तंत्रगिन्यान खात्यात काम करपी कर्मचाऱ्याची तुस्त केल्या.

भारतीय अंतरिक्ष यात्री शुबंशु शुक्लाक आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्राचेर व्हरपी ॲक्सियम-4 मोहिमेचे आयज मेरिकेंतल्या फ्लोरिडाच्या केनेडी स्पेस सेंटरांतल्यान येशस्वि प्रक्षेपण जाले.

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आमचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार